Panaji Regional 21st March 2026 7.25am

Rashmi

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी भारत सरकाराचे पिवपाचें उदक आनी स्वच्छता खाते, जल शक्ती मंत्रालय आनी गोंय सरकार हांचे मदीं 'जल जीवन मिशन २.०' सखयल जाल्ल्या समजिकाय कबलातीचेर (MoU) ऑनलायन पद्धतीन सय केली. ह्या वेळार केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी. आर. पाटील , गोंयचे पिवपाचें उदक आनी समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय आनी हेर वरीश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्लेगोंयान १००% दरेक ग्रामीण घरांत नळाचें उदक पावोवपाचें काम पूराय केलां अशी म्हायती .मुख्यमंत्र्यांनी म्हायती दिली. ह्या घट बुन्यादीचेर आदारून, आतां JJM २.० सखयल सेवेची गुणवत्ता, सुस्थिरता आनी दीर्घकालीन कार्यक्षमतेचेर भर दितले.ह्या कबलातीरवी डिजिटल प्लॅटफॉर्म, डॅशबोर्ड, जिओ-टॅगिंग आनी रिअल-टाइम डेटा हांच्या वरवीं देखरेख दवरपाची प्रगत प्रणाली,पारदर्शकता, कार्यक्षमता आनी उदक सेवा व्यवस्थापन सुदारपा खातीर नव्या तंत्रज्ञानाचो वापर,मानवी संसाधनांचे क्षमतावर्धन आनी प्रशिक्षण, जातूंत गांव पावंड्यार उदक व्यवस्थापन पंगडां खातीर कौशल्य विकास कार्यक्रमांचो आस्पाव आसा.बुन्यादी सुविधा कायमस्वरूपी चालू उरपा खातीर स्थिर संचालन आनी देखभाल आराखडो चालीक  लावपाक भर दितले अशे ह्या वेळार मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

Oral Health

काल २० मार्चाक संवसारीक oral health दिसा निमतान, बांबोळेतल्या गोंय डेंटल कॉलेज आनी हॉस्पिटलांत साबार कार्यावळी जाल्यो Indian Society of Periodontologyच्या सहकार्यान दंतचिकित्सा खात्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत दातांचे रोग आडावप आनी तोंडाची नितळसाण सांबाळपाचेर भर दिल्लो. 500 वयर दुयेंतींची दंतपरिक्षेची तपासणी जाली, तांचो परिणाम 'रिअल-टाइम' ॲप्लिकेशन वरवीं नोंद केले.

Dabolim

दाबोळेतल्या 328 फ्लॅटांच्या रेसिडेन्सी कॉम्प्लेक्सांत अतिसार, ओकारी आनी जोराची लागण जाल्ली. आता ही परिस्थिती नियंत्रणांत आसा अशी माहिती दक्षिण गोयच्यो जिल्हाधिकारी एग्ना क्लिटस हाणी दिली.

काल मडगावा प्रसार माध्यमांकडेन उलयताना भलायकी खातें, प्रदुशण नियंत्रण म्हामंडळ आनी पिवपाचें उदक खातें सगले तरेची जतनाय घेतात. ह्या रेसिडेन्सी

कॉम्प्लेक्सांतल्या 156 एकशे छप्पन जाणांक अतिसार, ओकारी आनी जोराची लागण जाल्या तरी सगळ्यांचेर योग्य उपचार जाल्यात अशी माहिती ताणी काल पत्रकारांक दिली.

ह्या रेसिडेन्सी कॉम्प्लेक्साक पिवपाचें उदक आनी मिनरल उदका पुरवण करपाचो आदेश पीडब्ल्यूडीक दिला. तेच प्रमाण ह्या रेसिडेन्सी कॉम्प्लेक्साचे उदका पुरवण जोडणी रोखडीच काडून उडोवपाचे आदेश तालुक्याच्या मामलेदारांक दिल्यात अशे ताणी सांगले.

अशुध्द आनी शुध्द केल्ल्या उदकाची भरसण जाल्ल्यान लोकांची भलायकी इबाडली अशी म्हायती तांणी दिली. संबंदीत सगल्या खात्यांक हाचेर नदर दवरपाक सांगिल्ल्याची म्हायती तांणी दिली.

लोकांनी सादूर रावचें आनी भलायकी इबाडली जाल्यार बेगोबेग प्राथमीक भलायकी केंद्रा कडेन संपर्क सादचो अशें आवाहन तांणी केलां.

Governor
गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी ईद-उल-फित्र सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं दिल्यात.

हो पवित्र सण दर एकल्याच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हळां.

CM
मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून मुस्लीम समाजातल्या बांधवांक ईद-उल-फित्रच्यो शुभेच्छा दिल्या आनी हो सण दर एकल्याच्या जीणेत शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें म्हणला.

HSSC
गोंय शालांत मंडळान 10 फेब्रुवारी ते 27 फेब्रुवारी मजगतीं घेतिल्ले यत्ता बारावेचे परिक्षेचो निकाल आज शेनवारा 21 मार्चाक सांजेच्या 5 वरांचेर जाहीर जातलो. ही परिक्षा 20 केंद्रांचेर जाल्ली. कला, वाणीज्य, विज्ञान आनी वेवसायीक फांट्यांन मेळून सत्रा हजार दोनशे त्रयायशी विद्यार्थ्यांनी ही परिक्षा दिल्ली. पर्वरच्या गोंय शालांत मंडळ इमारतींतल्या परिशद घरांत सांजवेळार 5 वरांचेर पत्रकार परिशदेंत निकाल

जाहीर जातलो. सगळ्या विद्यालयांक तांच्या लॉगिनाचेर 25 मार्च उपरांत एकवटीत निकाल उपलब्ध जातलो.

Weather

वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण फुडलें स दिस राज्यांत चडांत चड तापमान 33-34 °C जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 23-24 °C आसपाची शक्यताय आसा.

Sports

गोंय क्रिकेट संघटणेन शुक्रारा पवर जीसीए मैदानाचेर नव्या फ्लडलायटीचें उक्तावण केलें. 4 कोटी रुपया खर्च करून फ्लडलायट बसयल्यात. ह्यो लायटी आंतरराष्ट्रीय दर्जाच्यो आसात. आयपीएलाक लागतात तश्यो ह्यो लायटी आसून खेळगड्यांक सांजवेळार प्रशिक्षण घेवपाक बरें पडटले. मॅची वेळार उच्च दर्ज्याचे प्रक्षेपण करपा खातीर लेगीत हाचो उपेग जातलो, अशें जीसीएचे आदले अध्यक्ष चेतन देसाय हांणी सांगलें.